# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं लॉजिस्टिक कार्यशाळेचें उक्तावण

ता. 19 सप्टेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे मंत्रालयांत उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या लॉजिस्टिक कार्यशाळेचें उक्तावण केले. तशेंच ह्या कार्यक्रमात पीएम गति शक्ती मास्टर प्लानाची गोंयांत अंमलबजावणी आनी उपेगात हाडपा खातीर स्टॅण्डर्ड ऑपरेटींग प्रोसिजर (एसओपी) डॉक्युमेंटाचेय अनावरण केले.

कार्यशाळा पीएम गति शक्ती, युनिफायड लॉजिस्टिक इंटरफेस प्लॅटफॉर्म (युएलआयपी), गोंय लॉजिस्टिक आनी व्हेअरहाऊसिंग धोरण 2023 ची अंमलबजावणी ह्या विशयांचेर केंद्रीत आशिल्लीं.

गोंयांत गुंतवणूकीक आकर्शीत करून रोजगार संदीं निर्माण करपा खातीर लॉजिस्टिक क्षेत्राचो विकास करपाक सरकार कटीबद्द आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. गोंय लॉजिस्टिक आनी व्हेअरहाऊसिंग धोरण आनी सगळ्यां विभागांच्या एकवटीत प्रयत्नांतल्यान आमची लॉजिस्टिक तांक वाडोवपाचे आमचे ध्येय आसा. पीएम गति शक्ती मास्टर येवजणे वरवीं रस्ते, पोर्ट, हेर साधनसुविधां, डिजिटल पोर्टल आनी सॉफ्टव्हेअर अशां सुविधांचो विकास करपाक सरकारचे प्रयत्न चालू आसात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

शाळां, हॉस्पिटलां, उद्देग आनी रस्ते अशां म्हत्वाच्या साधनसुविधांची म्हायती पीएम गति शक्ती पोर्टलाचेर उपलब्ध केल्ली आसा आनी युनिफायड लॉजिस्टिक इंटरफेस प्लॅटफॉर्माचो उपेग करून सरकार येरादारी वेवस्थापन वेवस्थेची अंमलबजावणी करतले, अशें तांणी सांगलें.

एनएलडीएसएल चे सीईओ गिरीष कुमार सरपूर हांणी युनिफायड लॉजिस्टिक इंटरफेस प्लॅटफॉर्माची (युएलआयपी) म्हायती दिली. भारत सरकारच्या डीपीआयआयटी विभागाचे उपसचीव श्रीमती रवी किरण हांणी पीएम गति शक्ती उपक्रमाची म्हायती दिली.

दोन दिसांच्या कार्यशाळेत संबंदीत खात्यांच्या नोडल अधिकाऱ्यांक राज्य मास्टर प्लानची अंमलबजावणी, पीएम गति शक्ती पोर्टल आनी हेर विशयांचेर मार्गदर्शन करपात येतले.

उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयाच्यो सचीव श्रीमती स्वेतिका साचन, संचालक श्रीमती इन्ना क्लिटस, पुलीस म्हानिरिक्षक ओमविर सिंग बिष्णोई आनी वेगवेगळ्या खात्याचें वरिश्ट अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. नियोजन अधिकारी श्रीमती गीता जोशी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/500

--

------------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.